# हळर्णकर हांणी अंजुणे आनी आमठाणे धरणात नुस्तें सोडले

ता. 14 डिसेंबर 2022

नुस्तेमारी वेवसाय मंत्री श्री नीळकंठ हळर्णकर हांणी आयज अंजुणे आनी आमठाणे धरणात पोसपाचे नुस्तें सोडले. नुस्तेमारी खात्यान राज्यांतल्या धरणांतल्या साया उदकात नुस्तें पोसपाचो उपक्रम सुरू केला. राज्यांतल्या धरणांनी साये नुस्तें पोसपाक बरो वाव आसा. साया उदकात नुस्तें पोसपाक लोकांक प्रोत्साहन दिवप हो ह्यो येवजणेचो उद्देश आसा.

ह्या वेळार उलयताना श्री. हळर्णकर हांणी नुस्त्या उत्पादन वाडोवपाखातीर आनी राज्यातली नुस्त्याची मागणी पूर्ण करपाखातीर साया उदकांत नुस्तें पोसपाक प्रोत्साहन दिवपाची सरकाराची येवजण आसा. साया उदकात तांत्रिक पद्धतीन पांदर्‍यांनी नुस्तें पोसपाक लोकांनी फुडें येवचे, अशें तांणी सांगले.

आयज अंजुणे आनी आमठाणे धरणाच्या उदकात रोहू, काटला, कॉमन कार्प ह्या जातीच्या नुस्त्यांची सुमार पाच लाख पिलां सोडली. ह्या उपक्रमातल्यान राज्यांत सायें नुस्त्याचे उत्पादन वाडपाक मदत जातली.

श्री हळर्णकर हांणी केरीच्या फार्मात विविध प्रकारच्या नुस्त्याच्या प्रजननाखातीर उपलब्ध आशिल्ल्या सुविधांचीय पळोवणी केली. केरीच्या फार्मात शोभेचीय नुस्तीं पोसपात येतात. नुस्तेमारी खात्यावतीन राज्यातल्या हेर धरणांनीय पोसपाचे नुस्तें सोडपात येतले.

नुस्तेमारी खात्याच्यो संचालक श्रीमती शामिला मोंतेरो ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ल्यो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/787

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji